03.02.2025 @ 6. 30

आकाशवाणी पणजीच्या

120 sansad

महाकुंभ चेंगराचेंगरीच्या घटनेर चर्चेची मागणी करत आज विरोधकांनी संसदेच्या दोनुय सभाघरातल्यान सभात्याग केलो. लोकसभेत आज सकाळी सभागृहाची बसका झाली तेन्ना विरोधी पक्षांनी प्रयागराजातल्या महाकुंभात गैरव्यवस्थापनाचो आरोप करत घोषणाबाजी सुरू केली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला म्हणले की, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संसदेच्या दोनुय सभागृहांच्या संयुक्त बसकेक संबोधित करताना महाकुंभाचो उल्लेख केलो आणि आभार प्रस्तावावेल्या चर्चे वेळार सदस्य त्यांचे मत मांडूक शकतात. सभागृहाची प्रतिष्ठा राखून सभागृहाचे कामकाज चलोवंक दिवचे, असे त्यांनी सदस्यांक सांगले. मात, काँग्रेस, द्रमुक, समाजवादी पक्ष, टीएमसी आणि हेर सदस्यांनी आपलो विरोध सुरूच दवरलो. विरोधी पक्षाच्या सदस्यांनी सभागृहातून सभात्याग केलो.

राज्यसभेत सभागृहाची बैठक सुरू होताच विरोधी पक्षांनी या मुद्द्यावरून घोषणाबाजी सुरू केली. महाकुंभ घटना आणि हेर मुद्द्यांर विरोधी पक्षांनी मांडलेल्या स्थगन नोटिसी अध्यक्ष जगदीप धनखर हांणी नामंजूर केलोया गदारोळात सभागृहान शून्य वर सुरु केले

100 rahul

लोकसभेत संसदेच्या संयुक्त सभागृहांक राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणावेल्या धन्यवाद प्रस्तावार चर्चा जाली. चर्चे वेळार उलयताना, विरोधी पक्षफुडारी आणि काँग्रेसचे खासदार राहुल गांधी हांणी म्हणले की, राष्ट्रपतींचे भाषण फाटले वरसा प्रमाणच आशिल्ले. बेरोजगारीचो मुद्दो उपस्थित करताना गांधी हाणी म्हणले की, देशाचे भवितव्य तरणांट्यांचेर आसा आणि तांका प्राधान्य दिवपी मुद्दे त्यांच्या खातीर आसपाक जाय . बेरोजगारीची समस्या अजूनय कायम आसून, देशाचो विकास जात असतानाय सरकार त्याचेर उपाय करपाक अपयशी ठरल्याचे ताणी म्हणले. उत्पादन जीडीपीच्या 15.3 टक्क्यां वेल्यान जीडीपीच्या 12.6 टक्क्यांवर घसरला जो गेल्या 60 वरसातले जीडीपीतलो सगळ्यांत उणो वांटो आसा.सरकाराची मुखेल कार्यावळ मेक इन इंडिया संकल्पनेन बरी कल्पना आशिल्ली, पूण सरकार ती प्रभावीपणान चालीक लावपाक अपेस आयलां अशें तांणी सांगलें

80 kiran

राज्यसभेन संसदेच्या संयुक्त अधिवेशनात राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणावेल्या धन्यवाद प्रस्तावार चर्चा केली. चर्चेक सुरुवात करताना भाजपाचे सदस्य किरण चौधरी हांणी म्हणले की, सरकारान शेतकऱ्यांचे उत्पन्न दुप्पट करणपाक व्हड पाऊल उखलला . शेती क्षेत्राखातीर केल्या प्रयत्नांर विरोधी पक्ष सरकारविरोधात फटीची मोहीम राबयता अशे सांगून त्या वाट्याचे यूपीए सरकारन डॉ. स्वामीनाथन

हांच्या समितीच्या शिफारशी शीत पेटयेत दवरल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला सरकारन शेतकऱ्यांक त्यांच्या उत्पादनातल्यान अधिक उत्पन्न मेळावचे या खातीर खुप उपाययोजना केल्यात. देश सध्या खऱ्या अर्थान विकसित भारताकडे वाटचाल करता, अशेय ताणी म्हणले

110 VASIHANV

अंदूच्या अर्थसंकल्पांत रेल्वे खातीर विक्रमी तरतूद केल्या आनी अंदू गोंय राज्या खातीर 482 कोटी रुपयांच वाटप जाल्या अशी म्हायती रेल्वे मंत्र अश्विनि वैष्णव हांणी गोंयांतल्या प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना दिली. गोंयांत रेल्वे कडल्यान वट्ट 5696 कोटी रुपयांची गुंतवणूक जातली अशी म्हायती तांणी दिली.रेल्वे ट्रॅक नुतनीकरण, सिग्नलिंग आनी हेर मुळाव्या साधनसुविधां खातीर मिशन मोड तत्वाचेर 1,16,000 कोटी रुपया खर्च करतले अशी म्हायती वैष्णव हांणी दिली.लागसारच्या शारांनी रेल्वे हो मुखेल येरादारीचो मार्ग करप हो आमचो हेत अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.अंदू 200 नवे वंदे भारत गाडयो जोडून 1,020 नवे फ्लायओव्हर बांदतले.नव्या मार्गांचो निर्णय सविस्तर प्रक्रिया उपरांत जातलो, जातूंत सविस्तर प्रकल्प अहवाल, येरादारी अभ्यास आनी वाणिज्य, अर्थ आनी निती आयोग मंत्रालयां कडेन सल्लो घेवप हांचो आस्पाव आसतलो.

85 national

उत्तराखंडांत चालू आशिल्ल्या 38व्या राश्ट्रीय खेळां सर्तीत कर्नाटकांतल्या 15 वर्सां पिरायेच्या जोनाथन गॅव्हिन एंटनी हाणे दादल्यांच्या 10 मीटर एअर पिस्तूल सर्तीत भांगरा पदक जिखलें. सेनादळाच्या रविंदर सिंग हाणे रुप्या जाल्यार गुरप्रीत सिंग हाणे कांस्य पदक जिखलें. ऑलिंपिक पदक विजेतो सरबजोत सिंग चवथे सुवातेर पावलो. 38व्या राश्ट्रीय खेळां सर्तीत सेनादळन 17 भांगरा,

10 रुप्या आनी 8 कांस्य पदकां मेळोवन गूण वळेरीत पयल्या क्रमांकाचेर जाल्यार कर्नाटक 17 भांगरा, 9 रुप्या आनी 9 कांस्य पदकांसयत दुसऱ्या क्रमांकाचेर आनी 13 भांगरा, 23 रुप्या आनी 16 कांस्य पदकांसयत महाराष्ट्र तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी आठ वरा चाळीस मिनटांचेर. नमस्कार